राष्ट्रीय खबरो

३०.०१.२०२६ @ ६.३० pm

16 ते 20 फेब्रुवारी मेरेन नवी दिल्लींत जावपी भारत-एआय इम्पॅक्ट समिट 2026 ही संवसारांतली आतां मेरेनची सगळ्यांत व्हडली एआय परिशद आसतली अशें इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. आयज नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना वैष्णव हांणी सांगलें, कि एआय इम्पॅक्ट समिटांत शंबरां परस चड मुखेल कार्यकारी अधिकारी (सीईओ) वांटो घेतात. भारतान आपली एआय इकोसिस्टम विकसीत केल्ल्या पद्धतीची तांणी तोखणाय केली आनी ती प्रोत्साहन दिवपी अशें म्हणलें.

गृहमंत्री अमित शाहा हानी आयज आसामांतल्या दिब्रुगडांत दुसरें विधानसभा संकुल सयत 1,715 कोटी रुपयांच्या प्रकल्पांचें उक्तावण केलें.आसामाचे मुख्यमंत्री हिमंत बिस्वा सर्मा, केंद्रीय मंत्री सर्बानंद सोनोवाल आनी हेर मानेस्तांच्या हाजिरेंत गृहमंत्री अमित शाहा हानी ह्या प्रकल्पांचें अनावरण केलें. दिब्रुगड हें दुसरें प्रशासकीय केंद्र म्हूण स्थापन करपाच्या सरकाराच्या यत्नांतल्यान शाहा हानी 284 कोटी रुपयांच्या दुसरें विधानसभा संकुल आनी आमदार वसतीघराची बुन्याद घाली
दिब्रुगडांत जाल्ले भौशीक बसकेंत उलयतना शाहा हानी भारत-युरोपीय संघ मुक्त वेपार कबलातिक लागून आसामाची युरोपीय देशाची निर्यात वाडटली अशें सांगलें. आसाम हुंवारमुक्त करपा खातीर केंद्र सरकारान जायतीं पावलां उबारल्यांत अशें सांगून उदरगत, शांतताय, सुरक्षा, उद्देगीक वाड आनी हुंवार मुक्त आसाम खातीर येवपी विधानसभा वेंचणुकेंत भाजपाक तेंको दिवपाचें आवाहन मतदारांक केलें. आदल्या काँग्रेस सरकारांनी राज्या कडेन दुर्लक्ष केलां असो आरोप करून तानी सांगलें कि , काँग्रेसीन घुसखोरीचो उपेग मत-बँक राजकारणा खातीर साधन म्हणून करता. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाल केंद्र सरकारान आसामाचे उदरगती खातीर व्हड मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्प हाडल्यात अशें तांणी सांगलें.

भाजपाचे नवे राश्टीय अध्यक्ष नितीन नबीन आयज आनी फाल्या अशे दोन दीस गोंय भेटीचेर आसात.आयज सकाळी ते गोंयात पावले ह्यावेळर तांका पेडणेचे आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी भाजपाच्या कार्यकर्त्या सयत पेडणे मोपाच्या मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळार येवकार दीलो.ते उपरांत पणजे भाजप मुख्यालयात तांका भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक आनी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी तशेंच मंत्री आनि आमदार आनी भाजपाच्या कार्यकर्त्यांनी येवकार दीलो. आयज अनी फाल्याा तांची उत्तर आनी दक्षिण गोंयात पक्ष पांवड्यावेल्यो कार्यावळी आसात फाल्या ताळगांव कम्युनिटी होलात कार्यकर्ता सन्मेलनात

नितीन नबीन भाजपाच्या कार्यकर्त्यांक संबोधीत करतले.  भाजपा राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हांच्या फुडारपणा खाला भारतीय जनता पक्ष 2027 वर्सा गोंय विधानसभा वेंचणूक जिखून 2029 वर्सा राष्ट्रीय पांवड्यार परतून सत्तेर येतलो असो विस्वास मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी उक्तायला. भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हानी पक्षाक मार्गदर्शन दिल्ल्यान फुडाऱ्क  एकठांय काम करपाक मेळटलें अशें गोंय भाजपाचे अध्यक्ष दामू नायक हांणी कोर समितीचे बसके उपरांत सांगलें.

इंडिया एनर्जी वीक २०२६ चो आज समारोप जालो.  केंद्रीय पेट्रोलियम आणि सैमिक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी यांनी चौथ्या आवृत्तीचे वर्णन आश्वासक आणि प्रभावी आसा अशे  केले. समारोप सुवाळयांत उलयतना केंद्रीय मंत्री पुरी हांणी सांगलें की, ह्या कार्यावळींत जागतीक सीईओचो व्हड वांटो आशिल्लो आनी आंतरराष्ट्रीय कंपन्यांनी खोल रुची दाखयली. वीज, गॅस आनी जहाजबांधणी क्षेत्रांत जायत्यो कबलाती जाल्यात. नव्यो जागतीक कंपनींक  भारतीय कंपनीं कडे सहकार्य करपाची उमेद आसा अशें तांणी नदरेक हाडलें. भारत उर्जा सप्तक संवसारांतलें दुसरी  व्हड उर्जा माची म्हणून पयलींच उदेलां आनी हरित हायड्रोजन, संकुचित बायोगॅस, ल्हान मॉड्यूलर रिॲक्टर्स आनी हेर उदेते  तंत्रगिन्यान ह्या सारक्या जायत्या क्षेत्रांचो व्यापक आस्पाव आशिल्ल्यान तो अद्वितीय आसा अशें मंत्री पुरी हांणी सांगलें.

वॉशिंग्टनांत चालू आशिल्ल्या 'स्क्वॉश ऑन फायर  ओपनांत भारताचो वीर चोत्रानी हाणें पांच खेळांच्या रोमांचक मॅचींत संवसारीक 19 व्या क्रमांकावेल्या फ्रांसाचो बाप्टिस्ट मॅसोटी हाका हारयलो आंनी उपांत्यपूर्व फेरयेत स्थान मेळयले. बायलांच्या सर्तींत सातवे सुवातेर आशिल्ली अनाहत सिंगान दुसरे फेरयेंत दक्षिण आफ्रिकेंतच्या हेली वॉर्डाक 11-5, 11-8, 12-14, 11-5 अशी मात केली. उपांत्यपूर्व फेरयेत दुसऱ्या मानांकित आशिल्ली इजिप्ताची सना इब्राहिमा आड ती खेळटली.

बायलां प्रिमियर लीग, डब्ल्यूपीएल क्रिकेटांत गुजरात जायंट आनी मुंबय इंडियन्स हांचे मदली मॅच आयज सांजवेळा गुजरातांतल्या कोटांबी हांगाच्या वडोदरा आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत जातली.

भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्ली, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ आनी उत्तर प्रदेशांत दाट ते सामके दाट धुकें पडपाचो अदमास काडला.